**एसईसीन लॉकडावन काळांतल्या सद्याच्या कोविड- 19 परिस्थितीचेर चर्चा केली.**

पणजी, मे 2, 2020

राज्य कार्यकारिणी समितीची बसका (एसईसी) काल मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, आयएएस हांच्या अध्यक्षते खाला जाली. प्रधान सचीव विज्ञान आनी तंत्रज्ञान श्री. पुनीत गोयल, येरादारी सचीव श्री. एस. के. भांडारी, महसूल सचीव श्री. संजय कुमार, वांगडी सचीव, एसईसी आनी एसडीएमए ह्या बसकेक हाजीर आसले.

बसकेंत कायदो आनी सुवेवस्था, ट्रकांची येरादारी, मजत आनी निवारो आनी कोविड स्थितीचो नियाळ सारख्या जायत्या मुद्यांचेर एसईसीन थोडेभितर माहिती दिली.

एसईसीन ह्या उद्देशान जारी केल्ल्या एमएचए मार्गदर्शक सुचोवणे प्रमाणें विशेश रेल्वे सेवा सुरू जाल्या उपरांत लॉकडावनाक लागून अडकल्या आंतर राज्य हालचालीचेर एसओपी विचार करतले.

उद्योग प्रतिनिधीनी गोंया भायल्यान येवपी आवश्यक कर्मचार्यांची म्हायती एकठांय करून तांका प्राधान्य दिवप अशें प्रधान सचीव विज्ञान आनी तंत्रज्ञान हांणी सांगले.

एसईसीन कोविड चांचणी आनी परत आयिल्ल्याक घरांत विलगीकरणां खातीर शिश्टाचार विकसीत करप, कारण तांची संख्या सद्याच्या क्षमतेच्या तुलनेत चड आसा आनी ट्रेनिंन येवपी लोकांक चांचणी शिश्टाचाराची आवश्यकता आसा असो सल्लो भलायकी सचीवाक दिलो.

नोडल अधिकारी श्री. कुणाल हांणी सुधारीत एसओपी सादर केलो. एसईसीन एसओपीच्या विस्तृत आराख्यड्याक सहमती दिल्या आनी ऑनलायन पोर्टलच्या विविध स्त्रोतां कडल्यान प्राप्त केल्या आंकडेवारीच्या आधारान विकसीत जावपी गतीशिलते खातीर तयार रावंक सांगला.

एसईसीन श्री. कुणाल हांका मोबायल क्रमांक वा हेर वळखीच्या आदाराचेर डुप्लिकेट नोंदी काडून उडोवपाखातीर डेटा साफ करपाक विविध स्त्रोतां कडल्यान डेटा संकलित करून निरिक्षण करपाचो सल्लो दिला.

स्थलांतर करप्याच्यो हालचाली हाताळपाचे काम अतिशय नाजूक आनी व्यापक अभ्यासाचे आसा अशें निर्देश एसईसीन दिल्यात. म्हणून, नोडल अधिकार्याक आपत्कालीन गरजो पूर्ण करपा खातीर सगळे आवश्यक आदेश जारी करपाचे अधिकार दिल्यात.

शेती सचिवांन शेती उपक्रम सामान्य आशिल्ल्याची म्हायती दिली. शेतांत 12 शेत मळणी यंत्रणा आसात आनी 82 टक्के मळपाचे काम पुराय जाला. खरेदीकारांक आनी शेतकार्यांक एकाच व्यासपीठार हाडपा खातीर मोबायल एप्लीकेशनाचेर खातें

काम करीत आसा जाका लागून शेतकर्यांच्या हिता खातीर शेती उत्पादनांचेर मोलादीक दर सोदपाक यश येतले.

नुस्तें वेवसाय सचीवान नुस्ते वेवसाय क्षेत्रांतल्या स्थलांतरीत कामगाराचो डेटा एकठांय करता अशी म्हायती दिली. खात्याक सुरवेक आयिल्ल्या अंदाजा प्रमाणे सुमार 8000 कामगार जे उडिसा आनी झारखंडातले आसात जांणी आपल्या मूळ राज्यांत परत वचपाची इत्सा दाखयल्या. एमपीटीन एमएचए मार्गदर्शक तत्वांसयत एसओपीक जोडणी करप आवश्यक आसा असो सल्लो एसईसीन दिला, ह्या विशयाचेर डीजी शिपींग आनी राज्य शिश्टाचाराचेर एसओपी जारी केल्ल्या.

मद्य उत्पादाकांन सुमार 4.72 लाख लिटर हॅण्ड सॅनिटायझर्स तयार केल्यात. सॅनिटायझर्स फावोश्या प्रमाणांत उपलब्ध आसा आनी खातें प्रमुख तांच्या कडेन तांची मागणी वाडोवंक शकता अशी म्हायती अबकारी आयुक्तान दिली.

पीडीएस रेशन वितरणाची गती वाडिल्ली आसा जातूंत अनुदानित दाळीचो आसपाव आसा अशें नागरी पुरवण सचीवान म्हायती दिली. युक्तीकरणा उपरांत आता किराणा म्हालाची विक्री फलोत्पादन म्हामंडळाच्या ट्रका वरवीं जातली आनी रुपांतरीत केटीसीएलच्यो बशीं सामान्य कामा खातीर सोडटले अशें तिणें सांगले.

ह्या बसकेंत विलगिकरणाच्या सुविधेचेर चर्चा जाली. निमणे क्षणांक कसलीच अडचण येवची न्हय म्हणून मॅरेला डिस्कव्हरीच्या कर्मचार्या प्रमाणेच योग्य प्राधिकरण घेवन येवपी प्रत्येका खातीर वेगळे दवरपाची सोय पयलीच करची अशीं म्हायती भलायकी सचिवान दिली. एसईसीन जिल्लोधिकार्यांक भलायकी सचीवां कडेन विचार विनिमय करून यंत्रणां सुनिश्चीत करपाक सांगल्यात.

एसईसीन एमएचएच्या स्थलांतरीत हालचालीच्या आदेशाचेर चर्चा केली. एससीईन स्थलांतरीताच्या हालचालीचेर समन्वय सादपा खातीर नोडल अधिकारी म्हणून श्री. कुणाल, सीईओ हांची नियुक्ती करपाचो निर्णय घेतला.

दक्षिण गोंय जिल्लोधिकार्यान बोटीचेर चडपा खातीर साईन ऑन करूक इत्सूक समुद्री प्रवाशांच्या चांचणीच्या पद्धती विशीं चर्चा केली. एससीईन डीजी शिपिंग आनी एमएचएच्या मार्गदर्शक तत्वां वरवीं जारी केल्ल्या एसओपीचे अनुसरण करप आनी चांचणी शिश्टाचाराचे अनुसरण करपाखातीर भलायकी सचिवा कडेन समन्वय सादपाचो सल्लो दिल्लो.

बंदर (पोर्ट) सचीवान सांगले की, तांच्या कंपनीच्या म्हायती नुसार सद्या अंग्रियाचो दल येवंक शकना, राज्य तांच्या आगमना खातीर तयार आसा. बंदर सचीवान गोंयात परत येवपी बार्ज मालक संघटनाच्या मुद्द्यांचेर चर्चा केली. एसईसीन तांची चांचणी आनी वेगळे दवरपाच्या आवश्यकतेचो शिश्टाचार लक्षांत दवरून एक योजना (एसओपी) तयार करपाचो सल्लो दिलो.

एसईसीन डीएमए आनी पंचायच सचीवांक सांगले की सद्याच्या सुरक्षेच्या सगळ्या नियमा प्रमाणें बंद आशिल्ले बाजार कशें उगडपाचे ह्या संबंदान कार्यपद्धती

कश्यो थारावप, कारण ह्या बंदाक लागून दुकान मालक आनी राज्याच्या अर्थवेवस्थेचेर विपरीत परिणान जालो आसा.
डीआय/एनबी/पीएन/एसएजी/2020/1940

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA